19/04/2026 आकाशवाणी पणजी 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

<u>मुखेल खबरो</u>

- Nari shakti vandan adhiniyam विधेयकाक विरोध करपी INDIA alliance पक्षांचो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी निशेध केलो.
- चोपडे-मांद्रे हांगा भगवान परशुराम पुतळयाचें आमदार जीत आरोलकर हांच्या हस्तुकी आयज अक्षयतृतीयेच्या शुभमुहुर्ताचेर उक्तावण जाले.
- पं. कै. रामकृष्ण सुर्लकर हांणी गोंयांत कितलेशेच शिष्य घडयले अशें प्रियोळ मतदार संघाचे आमदार गोविंद गावडे हांणी सांगले.
- दिव्यांग सक्षमीकरण खात्यान २१ मार्च २०२६ सावन दारादारांनी वचून दिव्यांग व्यक्तींचें सर्वेक्षण करप सुरू केलां.
- उड्डाण पुलाचे कामाखातीर रावणफोंड सर्कल रस्तो काय काळा खातीर बंद द्वरतले.

Nari shakti vandan adhiniyam विधेयकाक विरोध करपी INDIA alliance पक्षांचो मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,भाजप गोंय प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक,आमदार देविया राणे सयत हेर भाजपाच्या फुडाऱ्यानी पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत निशेध केलो. बायलांवीशीच्या ह्या महत्वाच्या विधेयकाक विरोध केल्ल्या विरोधी पक्षांक वेंचणुकेदरम्यान बायला धडो शिकयतली अशे मत फुडाऱ्यांनी हेवेळार उक्तायले.
कॉंग्रेस हो राष्ट्रविरोधी पक्ष,जाल्यार इंडिया अलायन्स राश्ट्रविरोधी आनी बायलां विरोधी असो आरोप ह्यावेळार मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. Byte: cm
बायलां आरक्षण विधेयकाक विरोध केल्ल्यान विरोधकांचो निशेध करून भाजपान बायलांक सशक्त करपा खातीर सातत्यान वावर केला, जाल्यार विरोधी पक्षांनी हाडिल्ल्या दरेका सुदारणांक विरोध केला अशें प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणले.
बायलां सगळया मळार आता मुखार सरला,मात विरोधी पक्षांनी राजकीय समानता दीवपी महत्वाच्या विधेयकाक विरोध करून बायलांक राजकी पावंड्यार मेळपी समानतायेक आडमेळी हाडल्यात अशे आमदार देविया राणे हीणे म्हणला.

पडे -मांद्रे हांगा भगवान परशुराम पुतळयाचें आमदार जीत आरोलकर हांच्या हस्तुकी आयज अक्षयतृतीयेच्या शुभमुहुर्ताचेर तशेंच परशुराम जल्मदीसाच्या फांटभुयेर उक्तावण जाले.

.मांद्रेत परशुरामाचें देवूळ बांदतले अशी घोशणा हेवेळार आमदार  जीत  आरोलकार हांणी केली.भगवान परशुराम हे न्यायप्रिय आनी अन्यायाआड वावुरपी देव. गोयासारख्या पर्यटन भुंयेत येवपी पर्यटकांनी शिस्तीत रावचे अशी देख ह्या मुर्तीवरवी मोरजे येवपी पर्यटकांक आम्ही दीता अशे आरोलकार हांणी म्हणला.तरणाट्या पिळगेन भगवान परशुरामावीशी अध्यात्मीक आख्यायिकेचे वाचन करचे,तांचे चरीत्र उर्बा दीवपी आसा अशे तांणी म्हळा.

शिरगांव जात्रेच्या दिसा 'धोंड' समुदायासयत सयत दरेका भाविकान शिस्तन रांकेत रावप सक्तीचें अशीं खर सुचोवणी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सुरक्षा यंत्रणांनाक दिल्यात. भाविकांनी कसलोच अयोग्य बोवाळ वा गैरवागणूक केल्यार तांकां कसलीच नम्रताय वा सवलत ददाखोवची ना अशें तांणी स्पश्ट केलें. लईराई देवी जात्रेच्या फाटभुंयेर काल राती 'प्रात्यक्षिक सरावा (Mock Drill)'च्या  पयली मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी शिरगावाक भेट देऊन सुरक्षा आणि इतर व्यवस्थांची प्रत्यक्ष पलोवणी केली . जात्रेच्या दिसा शिरगांव वाठारांत खंयच्याच वाहनांक परवानगी दिवची ना. मुळगांवच्या वेगवेगळया सुवातींनी गाडयो पार्क करपाची सगली वेवस्था केल्या. मयेम आनी पोयरा वाठारांतल्यान येवपी भक्तांच्या वाहनां खातीर देवळा फाटल्यान पार्किंगाची सुविधा दिल्या अशी म्हायती येरादारी पुलीस अधीक्षक  प्रबोध शिरवोईकार हांणी दिली. अंदूंच्या लईराई जात्रेक व्हड आकड्यान येरादारी पुलीस दळाच्या कर्मचाऱ्यांची नियुक्ती केल्या अशे तांनी सांगले

दिव्यांग सक्षमीकरण खात्यान २१ मार्च २०२६ सावन दारादारांनी वचून दिव्यांग व्यक्तींचें सर्वेक्षण करप सुरू केलां. सांगें आनी दिवचल म्हालांत प्रायोगीक तत्वाचेर सर्वेक्षण सुरू आसा. दिव्यांग व्यक्तींचो सोद घेवप, तांच्यो गरजो जाणून घेवप आनी तांचे खातीर सरकारान सुरू केल्ल्यो विवीध येवजण्यो आनी सेवांची म्हायती करून दिवप हो सर्वेक्षणाचो उद्देश आसा. ह्या सर्वेक्षणा वरवीं दिव्यांग व्यक्तींची म्हायती एकठांय करून तांकां विवीध येवजण्यो आनी सेवांचो लाव मेळोवन दिवपाक मजत जातली. समाज कल्याण खात्याचे अधिकारी घराघरांनी भेट दिवन दिव्यांग व्यक्तींचें सर्वेक्षण करतले. लोकांनी अधिकाऱ्यांक दिव्यांग व्यक्तींची म्हायती दिवन सरकारान तांच्या कल्याणा खातीर सुरू केल्ल्या येवजण्यांची अंमलबजावणी करपाक सहकार्य करचें.सांगें आनी दिवचल म्हालांतल्या सर्वेक्षणा उपरांत हेर म्हालांनीय सर्वेक्षण सुरू करतले. लोकांनी कसलीय कागाळ आसल्यार वा मजत जाय आसल्यार दिव्यांग सक्षमीकरण खात्या कडेन संपर्क सादचो अशें ह्या खात्यान कळीत केलां.

पं. कै. रामकृष्ण सुर्लकर हांणी गोंयांत कितलेशेच शिष्य घडयले आनी तांचे शिष्यच आयज तांका खऱ्या अर्थान आदरांजली ओपतात अशें प्रियोळ मतदार संघाचे आमदार गोविंद गावडे हांणी सांगले. श्री गुरुकृपा संगीत सांस्कृतिक संस्था, म्हार्दोळ आनी कला व संस्कृती संचालनालयाच्या जोड पालवान पयलें कै. पं. रामकृष्ण सुर्लकर यादस्तिक संगीत संमेलनाचे उक्तावण करतकच ते मुखेल सोयरे म्हुण उलयताले. आयज सांजे ५ वरांचेर फोंडा राजीव गांधी कला मंदिरात ह्या संमेलनाचे उक्तावण जाले. ज्येष्ठ ऑर्गन वादक प्रदीप शिलकर हांचो हे संमेलनात आमदार गावडे हांच्या हस्तुकी भोवमान जालो. आय.एम.बी. संस्थेचे आदले वांगडी सचीव गोरख मांद्रेकर, वेलींग - प्रियोळ पंचायतीच्यो पंच वांगडी वैभवी म्हार्दोळकर आनी गुरुकृपा संगीत सांस्कृतिक संस्थेचे पदाधिकारी माचयेर हाजीर आशिल्ले.

ह्या संमेलनात पं. विश्वनाथ कान्हेरे , सोनिक वेलींगकर , समिक्षा भोबे काकोडकर , मुग्धा भट सामंत , सुभाष परवार हांच्यो गायन वादनाच्यो कार्यावळी जाल्यो. पुराय कार्यावळीचे सुत्रसंचालन गोविंद भगत हांणी केले.

मडगाव शारांतल्या पॉवर हाऊस सर्कल तशेच दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेन 4-लेन उड्डाण पूल रस्त्याचें बांदकाम चालू आसून ह्या उड्डाण पूल रस्त्याच्या खांब्याचेंर काँक्रिटाच्यो पाटयों (girder) उबारपाचे काम 20 ते 24 एप्रिल 2026 मेरेन करतले. गर्डर उबारपाचे काम चालू आसतना कसल्योच आडमेळीं येवच्यो न्हय आनी सुरक्षीत पणान काम जावचे म्हूण पॉवर हावस सर्कल/दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेनच्या वाठारांत येरादारीचेर निर्बंध घाल्यात.

पॉवर हावस सर्कल आणि दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेनच्या रस्त्याचेर येरादारीचेर पुराय पणान निर्बंध आसतलो अशे प्रशासनान कळयला.

सोमारा 20 एप्रिलाक सकाळी सकाळी साडेसात ते दनपरा साडेतीन. मंगळारा 21 एप्रिलाक सकाळी 8 ते बुधवारा सकाळी पाच वरामीरेन. बिरेस्टारा 23 एप्रिलाक सकाळी साडेस ते दनपारा दोन मेरेन तर शुक्रा 24 एप्रिलाक सकाळी साडेस ते दनपारा 3 वरामेरेन हो रस्तो येरादारीक बंद आसतलो अशें कळीत केलां.

काल भुवनेश्वरांत जाल्ल्या ग्रॅण्ड फिनालेंत गोंयच्या साध्वी सैल हिला 'फेमिना मिस इंडिया वर्ल्ड २०२६' (Femina Miss India World 2026) चो  किताब फावो आला हो गोयाखातीर एक अभिमानाच्या खिण आसा  .कलिंग इन्स्टिट्यूट ऑफ इंडस्ट्रियल टेक्नॉलॉजी हांगा हि सर्त जाली; जातुत देशभरांतल्या सर्तकांनी आपली प्रतिभा, आत्मविस्वास आनी उद्देशपूर्ण वृत्तीचे दर्शन घडय्ले .गोंयचें प्रतिनिधित्व करपी साध्वी सैल हिणे आपले संयमित वागणुकेन आनी व्यक्तिमत्वान परीक्षकांना प्रभावित केले  . ह्या कामगिरीलागून  तिका सर्वोच्च सन्मान प्राप्त जाला, तसेच 'मिस वर्ल्ड' सर्तीत भारताचे प्रतिनिधित्व करपाची संद मेल्ल्या .

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर पिराय २५ ते ५० विद्यापीठाची पदवी,पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो अणभव गरजेचो. वृत्तवाचक पदाखातीर पिराय 25 ते 50 वर्सा,पदवी, कोकणी भाषेत निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदावातीर, पिराय २१ ते ५० वर्सा आनी संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवी सयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमाजाय. पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी शिक्षिणक कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या
कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.
उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें
बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710
ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर पंजाब किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंग्दमदि खेळ जातलो

तमिळनाडू, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांगा तयार जाल्ल्या उण्या

दाबाच्या पट्ट्याक लागून फुडले तीन दिस गडगड मारून पावस पद्पाचो अदमास वेधशाळेन उक्तायला. वराक 30 ते 40 किलोमीटर वेगान वारें व्हांवपाचो अदमास आसा. तशेच फुडले 6 दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 33 ते 35 अंश सेल्सियस मदीं आसपाची शक्यताय आसा.